03.04.2025 @ 6.30 pm /7.20 pm

- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दनपरां राजभवनाचेर राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली.
- 2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेपयली बायलांक 33 % दील्ले राजकी आरक्षण गोंय सरकारान चालीक लावचे. अशे बायला कॉंग्रेसीची अध्यक्ष प्रतीक्षा खलप हाणी म्हणला.
- आप मजत गटांक अर्थीक सहाय्य दिवपा खातीर मंत्रालय दिनदयाळ अंत्योदय येवजण-राष्ट्रीय शार उपजीवीका मिशन चालीक लायता. अशे गृह निर्माण आनी शार वेवस्थापन राज्य मंत्री टोखान शाहू हांणी सांगला
- मडगाव रेल्वे स्टेशनालागी रस्त्याचे हॉटमिक्स पद्धतीन डांबरीकरण करपाच्या कामाक सुरुवात जाली
- गोवा सरकारच्या उजो पालोवपी दळ आणि आपत्कालीन सेवा संचालनालय १४ एप्रिलाक राष्ट्रीय उजो पालोवपी दिस मनयतले

गणेश 135

मंत्रिमंडळ फेरबदलाची चर्चा सुरू असतनाच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दनपरां राजभवनाचेर राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली. हे भेटीक लागून मंत्रीमंडळ फेरबदल आनी नव्या मंत्र्यांचे सोपूत विधीचे चर्चेक आनीक बळगें मेळ्ळें.

वास्तुशिल्पकला, संगीत, फार्मसी आनी फाईन आर्टस महाविद्यालयाचें गोंय विद्यापीठ कॅम्पसांत स्थलांतर जातलें. विद्यापीठाचे कुलपती ह्या नात्यान ह्या विशयाचेर राज्यपालां कडेन मुखेलमंत्र्यांनी चर्चा केल्ल्याची म्हायती सुत्रां कडल्यान मेळ्ळी. वास्तुशिल्पकला महाविद्यालया सयत चार महाविद्यालयांचें विद्यापीठ कॅम्पसांत स्थलांतरण करतले अशी घोशणा मुखेलमंत्रयांनी अर्थसंकल्पांत केल्ली.

मुखेलमंत्र्यां कडल्यान भाजप मेळाव्यांत जावपी वक्तव्यां तशेंच भेटींक लागून मंत्रिमंडळ फेरबदल चर्चेक नेट आयला.

मजगतीं, मगोचे अध्यक्ष दीपक ढवळीकार हांणी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांची भेट घेतली. हे भेटींत राजकी स्थितीचेर चर्चा जाल्ल्याची म्हायती दामू नायक हांणी दिली. दिल्लींत मंत्री सुदीन ढवळीकार हांचे सयत राष्ट्रीय सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांची भेट घेतले उपरांत मगो अध्यक्षांनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांची भेट घेतली.

रश्मि 110

2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेपयली बायलांक 33 % दील्ले राजकी आरक्षण गोंय सरकारान चालीक लावचे. आरक्षण दीवन उपकरना ताचो हक्क प्रत्यक्षान बायलांक मेळपाक जाय अशे बायला कॉंग्रेसीची अध्यक्ष प्रतीक्षा खलप हाणी म्हणला.गोयात बायलांचेर जावपी अत्याचारात वाढ जाला,हाका लागुन गोयांतली कायदो आनी सुवेवस्था कशी पेड्यार जाल्या ते स्पश्ट जाता अशे खलप हांणी म्हणले . काग्रेसीन आयज नारी न्याय आंदोलन केले.पणजे कॉंग्रेस हावस ते आझाद मैदानामेरेन सरकाराआड आंदोलन करीत तांणी बायलांक सुरक्षा दीवपाक गोय सरकार अपयेसी थारला अशे म्हणीत आंदोलन केले.म्हारगाय वाडल्या,सुशिक्षीत बायलांक नोकरी ना,पर्यटक थळांनी बायलांची सुरक्षा,गोंय पुलीशेचो pink force अकार्यक्षम जाला असो आरोप ह्यावेळार काग्रेस बायला मोर्चाच्या वांगड्यानी केलो. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गृह मंत्री म्हण बायलांच्या सुरक्षिततायेच्या बाबतीन पावला उबारची अशी मागणी बायला काग्रेसीन केला.

रश्मि 100

गोंयच्या तियात्रा खातीर युनेस्कोच्या सांस्कृतीक आनी दायज शिलालेख मान्यताय दीवची अशी मागणी दक्षीण गोंयचे खासदार खातीर कॅप्टन विरियाटो फर्नांडीस हांणी लोकसभेत उयतना केली. तियात्रा खातीर युनेस्कोच्या शिलालेखाक सुवीधा मेळची म्हूण गोंय सरकार आनी तियात्र समाजाच्या वांगड्याच्या सहकार्यान कृतीदळ स्थापन करचो अशें तांणी म्हणला. तियात्र समाजाक अनुदान, शिश्यवृत्ती, पेन्शन ह्या सारख्यो सुविधा मेळपाक जाय. Byte

गोयच्या तीयात्राक 133 वर्साचो इतीहास आसा ,ताका लागुन तियात्रांचे दस्तावेजीकरण जावप गरजेचे आसा अशे तांणी लोकसभेत उलयतना म्हणला.हे शिवाय गोयात एप्रीलासावन शाळा सुरू करपाचो निर्णय चुकीचो आसुन हो निर्णय सरकारान फाटी घेवचो अशी मागणी करपी निवेदन कॅप्टन विरीयाटो फर्नाडीस हांणी केद्रीय शिक्षण मंत्री धरमेद्र प्रधान हांका दीला

गणेश 120

दीनदयाळ अंत्योदय येवजण- राष्ट्रीय शार उपजीवीका मिशना खाला फाटल्या १० वर्सानी गोंयच्या २६४ आप मजत गटांनी लघु उद्देग सुरू केल्यात आनी १८ कोटी मेरेनचो लाव ह्या

गटांक फावो जाला. हे येवजणे खाला तातुंतल्या २३ गटांनी आपलो वेवसाय चलोवपाक रिणाचो लाव घेतला, अशी म्हायती गृह निर्माण आनी शार वेवस्थापन राज्य मंत्री टोखान शाहू हांणी दिल्या.लोकसभेच्या पटलार लेखी जाप दितना मंत्री शाहू हांणी ही म्हायती दिल्या. आप मजत गटांक अर्थीक सहाय्य दिवपा खातीर मंत्रालय दिनदयाळ अंत्योदय येवजण- राष्ट्रीय शार उपजीवीका मिशन चालीक लायता. हे येवजणे खाला केंद्र सरकार ६० टक्के जाल्यार राज्य सरकार ४० टक्के खर्चाचो भार घेता.
राज्यांत १४०६ आप मजत गटांची थापणूक जाल्या. तातुंतल्या २६४ गटांनी हे येवजणेचो लाव घेवन लघू उद्देग सुरू केल्यात आनी उद्देग फुडें चलोवपाक २३ गटांनी हे येवजणे खाला रीण घेतलां, अशें जापेंत म्हणला.

रश्मि 80

पेडण्या हरमलच्या नानोस्करवाड्यार आयज फातोडेर एका बिबट्याक  धरलो .सकाळी 3 वराचेर  रान खात्यान रचील्ल्या सापळयान तो आडकलो. हो  बिबटो एक वर्सांचो आसा आनी ताची भलायकी  स्थीर आशिल्ल्याची म्हायती रान खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या. बीबट्याची आता भलायकेची चांचणी करतले.ते उपरांत ताका परत रानान व्हरून सोडटले अशी म्हायती ह्यावेळार अधिकाऱ्यांकडल्यान मेळळया.हरमलान बिबटो भोवता आणि तातून काजीचो  हंगाम तशेंच पर्यटन वाठार आशील्यान थळाव्या नागरीकानी भिरांत अक्तायील्ली. ह्या बीबट्यासयत तिची आवय तशेंच आनीक बीबटे आसुये अशे  थळावे सांगतात,रान खात्यान बीबट्यांचो प्रस्न बेगोबेग सुटावो करचो अशी मागणी हरमलच्या लोकांनी केला.

सुशांत 85

मडगाव रेल्वे स्टेशनालागी आशिल्ल्या व्हिक्टर हॉस्पिटल ते पावरहाऊस जंक्शन या  रस्त्याचे वट्ट ६ कोटी रुपयां खर्चुन हॉटमिक्स पद्धतीन डांबरीकरण करपाच्या कामाक आयज मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांचे हस्तुकी सुरुवात जाली. ह्या रस्त्याचे डांबरीकरण पुराय जाल्या उपरांत रेल्वे स्टेशनार येवपी लोकांखातीर ताचो फायदो जातलो अशी म्हायती कामत हांणी दिली.रोखडेच ह्या वाठाराचे सोबितीकरणाचे काम हातात घेतले अशी म्हायती कामत हांणी ह्यावेळार दिली. ह्यावेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार तसेच हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले. मडगावात ज्या रस्त्यांचे डांबरीकरण जावपाचे उरलां ते कामय रोखडेच हातात घेतले अशे आमदार कामत हांणी सांगलें.

DIP 65

अजून ई-केवायसी पुराय करूंक नाशिल्ल्या लावार्थ्यांनी 30 एप्रिल 2025 पयलीं ती पुराय करची अशे नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान कळयलां .ई-केवायसी प्रक्रिया पुराय करपा खातीर आपल्या आधार कार्डाची प्रत आनी रेशन कार्डाची प्रत घेवन संबंदीत रेशन धान्य  दुकानाक भेट दिवची पडटली.थारायिल्ले तारखे भितर ई-केवायसी पुराय जाली ना जाल्यार हें नांव रेशनांतल्यान वगळतले. चड म्हायती खातीर लावार्थ्यांनी आपल्या तालुका नागरी पुरवण अधिकाऱ्यां कडेन संपर्क सादचो.

रश्मि 90

अन्न आनी वखदां प्रशासनान म्हापशेच्या अलंकार थिएटरा लागसारच्या फास्ट फूड स्टॉलांचेर धाड घालून अन्न सुरक्षेच्या नेम मोडपी  आनी गरजेची परवानगी  घे नासतना सुरू आशील्ले णव फूड स्टॉल बंद केले. बुधवारा सांजवेळार उसरां एफडीएचे अधिकाऱ्यांनी ह्या फुड स्टोलाची पळोवणी केली. ह्यावेळार खाणां-जेवणाचे स्टॉल बाबत स्थितींत अन्न तयार करतात आनी विकतात,तशेंच खाणाच्या जीन्नसात रसायनीक रंगाचो चड वापर  करतात आनी अस्वच्छ परिस्थितींत  खाणीच्या जीन्नसाची सांठोवणुक करतात अशे दीसुन आयले. ह्या दुकानकारांक नीवळसाण आनी भलायकीच्या नदरेतल्यान अन्न आनी वखदा प्रशासनान घालुन दील्लू नेम पाळात ना जाल्यार दुकाना कायमची बंद उडोवपाक तयार रावात अशी शीटकावणी FDA च्या अधीकाऱ्यांनी दील्या.

सुभाष 150

वास्कोच्या राष्ट्रीय पोलर आनी दर्या संशोधन केंद्रान घडोवन हाडील्ल्या "सायन्स इन द एक्सट्रीम" ह्या खाशेल्या प्रदर्शनाचो लाव राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी घेवंचो अशे आवाहन ह्या केंद्रान केला. फाटल्या २५ वर्साच्या काळात दर्या संशोधन केंद्रान केल्ल्या वावराचो नियाळ ह्या प्रदर्शनात पळोवपाक मेळटलो अशे आयोजकांनी कळीत केला. ह्या आकर्शक प्रदर्शनांत अंटार्क्टिका, आर्क्टिक, हिमालय, दक्षिण म्हासागर ह्या सारक्या अत्यंत दुर्मिळ वातावरणांतल्या शास्त्रीय संशोधनांचें प्रदर्शन जातलें. हें सगळे विद्यार्थ्यांनी  अणभवचे अशे आवाहन जाळवणदारांनी केला. अत्याधुनीक ध्रुवीय आनी दर्या संशोधन दाखोवपी परस्पर संवादात्मक मॉडेल, अंटार्क्टिका अणभवाक एक व्हर्च्युअल रियलिटी शो, भूविज्ञान आनी हवामान अभ्यासाचेर लायव्ह प्रदर्शन अशा वेगवेगळया कार्यावळीचो हांतूत आसपाव

आसा.  नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च, हेडलँड सडा, वास्को हांगा ४ आनी ५ एप्रिलाक जावपी हे प्रदर्शन दोनूय दीस सकाळी ९ ते सांजे ५ मेरेन सगळयांखातीर उक्ते आसतले. विद्यार्थ्यां खातीर विज्ञान आनी साहसाचे आकर्शण तयार जावंचे खातीर ही एक उत्कृश्ट संद आसा. सरकारी तशेच अनुदानीत शाळांच्या मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक आनी शिक्षकांक हे प्रदर्शन पळोवपाक प्रोत्साहित करचे अशे वास्कोच्या पोलर संशोधन केंद्रान मागला.

महेष 40

गोवा सरकारच्या उजो पालोवपी दळ आणि आपत्कालीन सेवा संचालनालय १४ एप्रिलाक राष्ट्रीय उजो पालोवपी दिस मनयतले आणि उपरांत १४ एप्रिल ते २० एप्रिल मजगती उजो पालोवपी प्रतिबंधक सप्तक मनयतले. हो वार्सुकी उत्सव कर्तव्य करताना अंतिम बलिदान दीवपी शूर उजो पालोवपी कर्मचाऱ्यांक श्रद्धांजली दिवपाक म्हणून पाळतात.

आनी इतल्यान हयो  प्रादेशिक खबरो सोपलयो. मुखावेलयो प्रादेशिक खबरो तुमका आयकुक मेळतल्यो  फाल्या सकाळी सात वरा 25 मिनिटांचेर नमस्कार